श्रीकृष्णकथासुधा

शरतचंद्र शेणै

शरतचंद्र शेणै विरचित

अष्टोत्तरशतश्लोकी कोंकणीकाव्य

श्रीकृष्णकथासुधा

Disha Institute of Konkani
Palluruthy, Kochi - 682006

ॐ

कृष्णा नंदकुमारा
मुरळीधर गोपाला
गिरिधर श्यामकिशोरा
जग हें तुगेली लीला

युगमोहक तें नांव
दिका दिका ती कीर्ति
तूं करुणेचें धाम
सुलभ तुगेली प्रीति

जाय म्हण्टाय शतजन्म
चरित तुजें वर्णूंक
हांव जालां शतमूर्ख
देंवलां दर्या मापूंक

नमन तुगेले चरणीं
रूप बेसयतां हृदयीं
मनोमनीं ही मागणी
भरि झोळी उतरांनी

जिबेक जी शब्दसुधा
कानांक पीयूष सदा
अंतरांत अमृता वर्षा
आयकयतां ती कृष्णकथा!

द्वापरयुगाचें भारतवर्ष
यादवांगेली मथुरानगरि
देवकीले लग्नाचो आघोष
थांगा रावळारांतुले वेदीरि

शूरसेनसुत वसुदेवाक
खूब साजता देवकपुत्रि
पतिगृहीं तांकां पावोवंचाक
राजकुमारूच जाला सारथि

राजपुत्र म्हुण कंस फुल्लता
घोडां रथ उपहार तागेलो
देवकीक जो म्हांत जाता त्या
उग्रसेनरायालो पूत तो

ह्या वेळारि आयकूक आयली
आठयनास्तना देववाणि ही
‘आठवो पूत हे देवकीलो तो
कंसाचो संहार करतलो!’

कुरडो जाता मू कंस भीतीन
खांडें उबारता भयणी हत्येक
समजायता वसुदेव हें सांगून
‘दिवीन तुका आमच्या बाळांक’

वसुदेवाक देवकी सहित
बंदखणींत घालो कंसान
एक एक म्हुण मेजीत मेजीत
बाळकांक मारले नीचान

योगमायेलो केद्दो चमत्कार
सातवो बाळक पावलो गोकुलांत
आठवो जन्मलो श्यामांगसुंदर
श्रावणांतुल्या पावशे रातींत

बाळकाक काडून वसुदेव
चमकलो गोकुलाचे वाटेन
दारां उगडलीं स्वयमेव
उदाक फाडलें यमुना नदीन

निद्रेर जालो समस्त लोक
गोकुलांत पावलो बाळक
आनीक मेळ्ळी वसुदेवाक
यशोदेर जालेले मायेक

उटायलो कंस दुःस्वप्न दिकून
धावलो तो आठवे चेरडाक सोदून
उबारलें ताका पायांक धरून
स्वंत रूप धरलें मायादेवीन

‘अंतक तुगेलो जन्मार आयला
सोदि ताका रे नराधमा!’
ह्या उतरांनी अदृश्य जाता
हासत हासत देवी अंबा

हिंसेचो साकार तो कंस
असुर कालनेमीचो जन्म
शिशुहत्येक देंवला नृशंस
घात घालता आनी करता अधर्म

कंसनियोगान पूतना पावंता
गोकुलांत बाळाक पळयता
विष लायलेलें थान पिवयता
श्याम तिगेलो जीवूच चोखता

दोग ते वाड्डले नंदघरांतू
मोगाचे जाले समस्तमनांतू
चंद कुशल बुदवंत तो श्याम
हलप्रिय बलवंत बलराम

शकटासुर तो सोदून पावलो
तृणावर्त झोडान आयलो
तशी तशी ते पावले असुर
मारले तांकां कृष्णान सत्वर

असुरांले पीडेचे कारणान
गोकुल सोडलें नंदजनान
लक्ष्य केलें तान्नी वृंदावन
जंय काळिंदी, आनी गोवर्धन

पावले थांगाय ते कंसकिंकर
पाड्‌डो जावन आयलो वत्सासुर
ढोंक जालो अतिशक्त बकासुर
भीमाकारा हार अघासुर

एक एक जावन आयले असुर
कंसाले ते आज्ञापालक
लक्ष्य तांगेलो नंदकिशोर
ताणेच सोडले कालपुरीक

नांव पांवयलें वृंदावनाक
लीला दाकयली अनेकनेक
ब्रह्माले मायेक जिक्वलो
काळीयाले फणार नांचलो

गोपिकांगेलीं न्हेसवणां फारलीं
विप्रस्त्रीयांलीं अंतरां चोरलीं
शमन केली अतिघोर वनाग्नि
दमन केली इन्द्राली क्रोधाग्नि

गोवर्धनाची पूजा चमकली
इन्द्रकोपान अतिवृष्टि जाली
पर्वत उबारलो श्रीकृष्णान
सात दीस तशी गेले लेखान

राय देवांलो क्रमान हारवलो
शक्ति तागेली पडली वार्यार
वृष्टि राबली, सूर्या हासलो
गोप नांचले ‘गिरिधर! गिरिधर!’

आश्वीनाच्यो राती पांवतना,
ओतता चांदीणें दुदा समान
यमुनातटार कन्हैया तेन्ना
राधासमेत करता नर्तन

रासलीला ही वृंदावनाची
कौमाराची, तारुण्याची
गोपगोपिका जन सर्वांनी
मंत्रमुग्ध संमोहित जावंची

वेणुनाद, ना म्हळ्यार वेदना
राधेक वेगळें कांय ना
कृष्णाकय तिजेवरी कोण ना
हांचेवरी वेगळी जोडि ना

मथुरेंतू कंसान आयकली
अतिमानवी वृत्ति कृष्णाली
भीति वाड्डली, बुद्धि दिसली
धनुर्यज्ञाची तयारी केली

सात दिसांच्या त्या उत्सवांतू
तरातरा आयोधनमत्सर
नंदसुतांक बाहुयुद्धांतू
हत्या करूक महामल्लवीर

श्यामसुंदराक आपोवनु हाडूक
राजाज्ञा मेळ्ळी ती अक्रूराक
भाग्य आयलें म्हूण देवदर्शनाक,
सीमा ना तागेले आनंदाक

धर्मरक्षकाक दिकूक देवला
मातुलतुल तो यादववीर
वृंदावनांत येवनु पावलोलो
भ्रमित जालो तो भक्ताग्रेसर

वृंदावनारि ग्ळानि पसरल्या
मथुरेक वता कृष्णकन्हैया
कंसालें आमंत्रण आयल्यां
दुष्ट रायान कुतंत्र रचल्यां

अक्रूराले रथार चडला
वृंदावनाचो हृदयचंद
गोपजनावलि निर्जुळ राबल्या
कंठीं कंठीं भरल्यां गद्‌गद

रडता यशोदा, रोहिणी, राधा
श्याम, राम, गोविंद जपून
रथाचे ओटू गेलोलो नंदा
संत परतलो दोळे चिटून

अनुपम आनन्दाचे दीस
वृंदावनवासींक मेळ्ळेले
उजो सरी ते जळ्ळे उडगास
अंतरंगां हुलपायत राबले

मथुरापुरींत पावले म्हण्टना
देवले ते कुमार रथावेले
देवकीसुतांक वळखले तेन्ना
विस्मय पावले जन सगळे

पावली कुब्जा भक्तिभावान
सुगंध तीणे दिलें यथेष्ट
वासुदेवाचे दर्शनमात्रेन
पोंग वचून ती जाली स्वस्थ

जाले असले खूब चमत्कार
मोडून घालें यज्ञाचें चाप
मदहस्ताक मारलो मस्तकार
मल्लवीरांक दिल्ली जाप

कुवलयापीडाचो प्राण गेलो
चाणूर मुष्टिक रक्त ओंकले
इतल्यान कंस मू क्रुद्ध जालो
सगळ्यांक मारूक ताणें सांगलें

कंसान हातांत खांडें काडलें
कृष्णान दुष्टाले केस धरले
असुराले दोळे काळखान भरले
भांगरा किरीट भुंयचेर पडलें

धाडवून पडलो कंस तो खाल
हर्द्यारि खोंबलें कृष्णालें पावल
कंसाली काणी अर्द्यारि सरली
देवांली वाणि सत्यांत आयली

कारागृहांत गोविंद पावलो
वृद्धरायाक विमुक्त केलो
बप्पाले चरणारि नमन केलें
आवसूले विकरचे दोळे पुसले

इतले वर्षांचे दुखाक लागून
राकिल्लो म्हूर्त जो पावलो तेन्ना
उत्रांनी उत्रां ताळ्यांत अडकून
खोळसांत बुडलीं दोग जनां

वात्सल्यदाते, वात्सल्यपात्र
राबिले बालक मथुरापुरींतू
देवकी-वसुदेव वत्सलपुत्र
गोवाळे आतां राजघरांतू

जन्मा नियोग स्वतः वळखून
धर्मसंरक्षणा व्रत घेवून
वृंदावनाचो विचार सोडून
यदुकुला दीवो तो राबलो जळून

चमकलो दोगांलो ब्रह्मोपदेशू
ब्रह्मचर्यैंत निजाचो प्रवेशू
विद्याविज्ञान करूक प्राप्त
सांदीपनीलें घेतलें शिष्यत्व

सांदीपनि मुनि ज्ञानवंत
दिलें शिष्यांक समस्त ज्ञान
शास्त्र, चरित्र, वेदवेदांत
क्षत्रियधर्म आनी पुराण

गुरुदक्षिणा अत्यपूर्व दिली
मुनिपुत्र जो एकदां शेणलोलो
परतून हाडलो चलून यमपुरि
हिंसिल्ले शंखासुराक मारलो

विद्याविज्ञान संपूर्ण जालें,
मथुरेक परतले राजपुत्र
वृंदावनाचे उडगास आयले
उद्धवाक धाडिलो दिवनु पत्र

आसा जरासंध राय मगधेचो
कंसपत्नी दोगी धुवो तागेल्यो
तांचे वैधव्यांत कोपिष्ट जालो
यादवां लागी झुजाक आयलो

एक न्हय दोनि न्हय, सत्रा पावटी
झुजून आयलो तो चक्रवर्ती
हारी दिली ताका सत्राय पावटी
इतल्यान मथुरा दुबळी जाली

यादवरक्षेक वाट सोदून,
पर्वत दांटवून युवक गेले
पश्चिमसागरा देग लागून
द्वारकाराज्य साकार जालें

मथुरेचे सगळेय मेळनु गेले
गायांचे घोड्यांचे सहित गेले
हानी विना द्वारकेंत पावले
हुसको सोडून नांचूक लागले

भीष्मकराय विदर्भदेशाचो
धुवे स्वयंवराक आपयता रायांक
विप्राचे वाटेन संदेश प्रेमाचो
धूव रुक्मिणी पेटयता कृष्णाक

स्वयंवरा दिसा गोविंद वता
स्वंत रथारि प्रेमीक हाडता
साबार राय झुजाक आयले
आयलेले सगळेय हारवून धावले

रत्न स्यमंतक सत्राजितालें
खंयतरी रानांत शेंडून गेलें
देंवलो गोविंद रत्न सोदूनू
आपण्याक दूषण दिलें म्हणूनू

जांबवंता लागी पावलो सोदीत
हर्षाचें दर्शन दिलें भक्ताक
स्यमंतक रत्न भक्तीन परतीत
दिली धुवेकय ताणे कृष्णाक

शेणलेलें रत्न परतून पावलें
सत्राजिताक आनंद जालो
सत्यभामा धूवेक तागेले
कृष्णाक दिवनु तो तृप्ति पावलो

द्वारकाधीशाक आट पत्नी
रुक्मिणी, सत्या, सत्यभामा
भद्रा, काळिंदी, जांबवती
लक्ष्मणा आनीक मित्रविंदा

नरकासुराले दुष्कर्म अत्यंत
इंद्रादिकांनी सहाय मागलो
गरुडारूढ गेलो गोविंद
नरकासुराचो संहार केलो

दुष्टांक जायत्यांक मारले हारवयले
शिष्टजनांगेलें रक्षण केलें
जिक्वलो बाणाक, मारलो मुराक
मारलो कारूशाच्या दुष्टपौंड्राक

याग यज्ञादिक मस्त करयले
धर्मपालनाक सारें शिवंडिलें
पांडवांक मार्गदर्शन दिलें,
धर्माचे खांबे तयार केले

देवसहायान खांडवदाहू
अर्जुनाक मेळ्ळें गांडीव धनू
देवसहाय युधिष्टिराक
विघ्न विना राजसूय करूक

काशैल तंत्र चलयलें कृष्णान
मेलो जरासंध भीमाचे हातान
जायत्या रायांक मेळ्ळें विमोचन
राजसूय याग जालो भूषण

यज्ञसाफल्याची अग्रपूजा
द्वारकाधीशाली पादपूजा
द्वापरयुगाची धर्मपूजा
देवलोकां थाकून पुष्पपूजा

चेदिराय शिशुपाल गर्जलो
क्रुद्ध जावन कृष्णाक निंदिलो
शंबर चूको देवान सोसल्यो
मागीर ताजो संहार केलो

कारुण्यमूर्ती, श्रीचक्रधारी
भक्तांक राकपी, उल्याक पांवपी
रडता पांचाली कुरुसभेरी
राकता तिगेलो मान मुरारी

कृष्णेन दिलो भाज्येचो पालो
खावनु गोविंद संतृप्त जालो
दुर्वास सहित शिष्यांक पावलो
मृष्टान्नभोजना आस्वाद मेळ्ळो

दर्शनाक आयला परणो सतीर्थ्य
नांव सुदामा, सानप्राये मित्र
हाडांरि साली, पिंजल्लें वस्त्र
म्हण्टाय कुचेल, निर्धन विप्र

आश्चर्य पांवता, द्वारका चोवनू
द्वारका चोयता, आश्चर्य पावनू
ऐश्वर्य केदें, केदें दारिद्र
अशी ते दोग, परणे सतीर्थ्य

येता सुदामा शंका समेत
वता गोविंद भारी हर्षेत
घेता काणीक सुके फोवाची
दिता संपत्ती सात पीढींची

आसा कृष्णाक भयणि सुभद्रा
अर्जुन करता मोग तिजेरी
वत्सलबंधू तांकां मेळयता
उत्तमजोडि जाता तांगेली

अर्जुनाली मित्रभक्ति अपार
कृष्ण जाला ताका देवा समान
कृष्णाक संपूर्ण विश्वास पार्थार
अत्यंत आत्मार्थ मित्रा समान

दोग हे मित्रांक, कर्मान धीरांक
पळोवंचो मोह जाला विष्णूक
द्वारकेचे एक विप्रपत्नीक
जन्मल्ले बाळ जाताय मृतक

बालरक्षेक दिता उतर,
धनंजय मू जाता तयार
अस्त्रकवचान पांगुरता घर,
तरीय नष्ट जन्मल्लें पोर

कोपताप संतापान विप्र
धनुर्धराक घालता शिराप
उतर चुकयल्यान अग्निकुंडांत
जीव समर्पूक चमकता पार्थ

पावनु त्वरित कृष्ण आडायता
ताकाय घेवनु देवंता सोदूक
यमलोकांतूय चेरडूं मेळ्ळेंना
अखेर पावले ते विष्णुधामाक

परतून दीत विप्रबाळाक
चतुर्भुजान हासून म्हळें
‘दोगांक तुमकां हांगा हाडूक
सान हें कौशल हांवें केलें!’

धर्मक्षय लागला कुरुकुलाक
शकुनी थापला कौरवांक
हारि खावोवन कपटी द्यूतांत
पांडुपुत्रांक पेटयले रानांत

बारा वर्षांक रानांत राबून
तेरावें वर्ष अज्ञातजीवन
वेळावेळार थंय थांगा वचून
दिलें कृष्णान सहाय सांत्वन

पावले पांडव परतून गावांतू
जाल्यार मेळ्ळेंना राज्य तांकां
जालो गोविंद तांगेलो दूतू
कौरवांक पुण बर्याचें नाका

धर्मयुद्ध तें घडलें ताी
द्वापरयुगाचें घोररण
साबार महारथि दोनीय वशीं
पार्थसारथि मू जालो कृष्ण

इष्ट, बंधु आनी गुरुजनांक
मारचें कशी, कसल्याक वृथा?
खेद विषाद जालो अर्जुनाक
बेसलो निर्जुळ पावनु व्यथा

कृष्ण म्हण्टा - रे, धर्मयुद्ध हें!
क्षात्रवीर तूं! उठ धनुर्धरा!
सोडी विचार दुर्बलतेचे
उखल गांडीव शत्रुहरा!

देव दिता तें ज्ञान सुयोग्य
विश्वरूप पळोवंचें भाग्य
पार्थ समजता दैवनिश्चित
कितें नश्वर, कितें शाश्वत

कसलेंच आयुध ना घेतलें
कृष्णान अत्भुत रचलेलें
आषा दिसांचें धर्मयुद्ध तें
घटिके घटिकेन घडयलेलें

सत्यधर्मांचे पांडवरक्षेक
पावलो सदा तो पावटी अनेक
वैष्णवास्त्र घेतलें हर्द्यारि
पुष्पहार तो जालो गळ्यारि

अभिमन्यु अर्जुनालो पूत
घात ताजो कौरवांनी केलो
धनुर्धरान घेतलो सोपूत
कृष्णकृपेन तो पालन केलो

नारायणास्त्र निवोवन घेवंचाक
नमन करूक लायले सर्वांक
रथ माडोवन देंवयलो खालाक
कर्णालें तें नागास्त्र चुकोवंचाक

एक एक जावन पडले कौरव
युद्धवीर, महारथि, राय
भीष्मपितामह, द्रोणाचार्य
अंतीं पडलो दुर्योधन तांय

धर्मयुद्ध तें प्रळयसमान
कुरुक्षेत्रावेलें महारण
अधर्माचे संपूर्ण विनाशान
साध्य जालें धर्माचें रक्षण

गांधारी धृतराष्ट्र दोगांक
सांत्वन दिवंचाक गेलो मुरारी
दूषण तेन्ना दिता कृष्णाक
शंबर पूत गेलेली गांधारी

घेतलो शिराप गांधारीलो
मंदहास समेत केशवान
युधिष्टिरानुज भीमाक राकलो
धृतराष्ट्रालिंगनांत थाकून

शरशय्येवेले भीष्माक दिलें
सुखशयनाचें वरदान
अभिमन्यूले पुताक दिलें
दिव्यास्त्र सोडोवन जीवदान

सत्तीस वर्षां गेलीं क्षेमाचीं
यादव बुडले अतिभोगांतू
घडली निंदा मुनिवर्यांची
यदुकुल पडलें त्या शापांतू

एकामेकाचेर हात उबारून
यादव सगळे मेले मारून
प्रभासतीर्थार करून ध्यान
समाधि घेतली बलरामान

त्यजून सर्वय मनोमनीं
एकटो चमकलो कृष्ण वनीं
पावलो वनांतर चलून चलून
बेसलो ध्यानार चिंता सोडून

वनचारी निषादान दिकलें
दूर दिकाच्यान पावल देवालें
चितळ निपता ताका दिसलें
अचूक ताणे अस्त्र चलयलें

बाण येवनु पावलाक तोपलो
अवताराचो अंत रचलो
देह सोडून निजधामाक गेलो
विष्णुरूप धरलोलो देव तो

अवताराचें उद्दीष्ट जालें
महाविष्णु पावलो वैकुण्ठांतू
द्वापरयुग तशी अस्तमलें
द्वारका बुडली समुद्रांतू

युग तें सरलें, तरीय वरलें
कितलेच अंतस्करणानी
नांव तागेलें, रूप तागेलें
एक एक ती अत्भुत करणी

नंदकिशोर तो रेंव खाता
तोंड वाकतें करयता यशोदा
सुकृत केलेली वत्सलमाता,
चोवदा लोक थंय दिकून भिता

चित्रां झळकताय अशी कितूलीं
हर्दें फुलोवंचीं, मन हर्षावंचीं
काणी तुगेली सांगली, आयकली
हे वरी पुण्याय खंय वेगळी

उतरां तुगेलीं तेजवंत
धर्मसंकटांत वाट दाकोवंचीं
असंख्य जाणाक, अनंत काळांत
जीविताचो तीं अर्थ सांगिल्लीं

कालचो न्हय तूं आयचो, फायचोय
सरना तुगेलें युग केदनाय
लीला आतांय तूं दाकय दाकयता
राकता मू आमकां आमी नेणतां!

।। इति श्रीकृष्णार्पणमस्तु ।।

शरतचंद्र शेणैलीं पुस्तकां -

- अंतरनाद (केन्द्रीय साहित्य अकादेमी पुरस्कार प्राप्त काव्यसंग्रह)
- आत्मायन (डॉ. टी.एम.ए. पै प्रतिष्ठान पुरस्कार प्राप्त काव्यसंग्रह)
- इदं न मम (विश्वकोंकणी कविता कृती पुरस्कार प्राप्त काव्यसंग्रह)
- श्रीकृष्णकथासुधा (अष्टोत्तरशतश्लोकी काव्य)
- मीरा, जीवन आनी कवन (देवकी कृष्ण ट्रस्ट पुरस्कार प्राप्त परिभाषा)
- रसिक रसायन (संस्कृती आनी साहित्य संबंदी लेखनांचो संग्रह)
- श्रीवेंकटेश सुप्रभात (परिभाषा)
- परणें घर (बालसाहित्य)
- अनिश्चित (नवलिका)
- लोकधन (केरळांतुल्या कोंकणी लोकसाहित्याची वळख)
- गीत सरोवर (भावगीत, भक्तिगीत आनी बालगीत)
- कोंकणी सचित्र प्राथमिक (भाषासहायी)
- साहित्य संकलन (संपादित साहित्य संग्रह)
- काव्योद्यान (संपादित कविता संग्रह)
- साहित्यदीप्ति (संपादित साहित्य संग्रह)
- नंदादीप (संपादित साहित्य संग्रह)
- अक्षरगीता (गीताश्लोकांतुल्यान देवनागरीचो परिचय)
- കൊങ്കണി ഭാഷാ പഠന സഹായി (पदावली सहित भाषासहायी)
- മലയാളം കൊങ്കണി ക്രിയാപദാവലി (क्रियापदावली)
- കൊങ്കണി നമ്മുടെ മാതൃഭാഷ (लघुपदावली)
- പൊൻതിരി (कोंकणी काण्यांची परिभाषा)
- Script, A Scientific Contemplation (Essays from Konkani)
- Saga of the Uprooted (*Khanda Kavya* from Konkani)
- A Handbook for writing Better Konkani (with a Vocabulary)